**मुक्त आनी निष्पक्ष वेंचणूक घेवपा खातीर बँकांची भूमिका म्हत्वाचीः कुणाल**

ता. 08 डिसेंबर 2021

मुक्त आनी निष्पक्ष वातावरणात वेंचणूको घेवपा खातीर बँको वेंचणूकांच्या काळांत म्हत्त्वाची भूमिका बजावतात, अशें मुखेल वेंचणूक अधिकारी श्री कुणाल हांणी आयज पणजे मुखेल वेंचणूक अधिकाऱ्यांच्या कार्यालयांत गोंयांतल्या बँकांच्या प्रतिनिधी वांगडा घेतिल्ल्या बसकेत उलयताना सांगलें.

वेंचणुक प्रक्रिया नितळ वातावरणात पुर्ण करपाच्या उद्देशान भारताच्या वेंचणूक आयोगान फ्लाइंग स्क्वॉड्स आनी स्टॅटिक सर्व्हिलन्स पंगडांखातीर एक मानक कार्यप्रणाली जारी केल्ली आसून जाचो उपेग वेंचणूक प्रचार, खर्च, लांच, बेकायदेशीर शस्त्रां बाळगूवप, सोऩ्याची विक्री आना हेर गैरवेव्हाराचेर लक्ष दवरपा खातीर जाता, अशें तांणी सांगलें.

गोंय राज्यांत 2022 त जावपी **सार्वत्रिक** वेंचणुक मुक्त आनी निष्पक्षपणान घेवपा खातीर सगळयां बँकांनी वेंचणुकीच्या काळांत बॅकांतल्यान जावपी सदांपरस वेगळया आनी दुबावीत रोख वेव्हाराचेर लक्ष दवरपाक सांगलें.

श्री तुषार हळर्णकर हांणी वेंचणूक काळांत बँकांनी खर्चाच्या देखरेखी खातीर करपाच्या उपायांची माहिती दिली .

आरबीआय चे उप प्रादेशिक प्रमुख श्री अजय कुमार, सहकार निबंधक श्री अरविंद खुटकर, आयकर विभागाचे एम. रवितेजा आनी वेगवेगळया बँकांचे प्रतिनिधी बसकेक हजर आशिल्ले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/1025

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji